भारत- इंडोनेशिया

भारत- इंडोनेशिया जोड आयोगाची बसका नवी दिल्लींत जाली. विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर आनी तांचे इंडोनेशियन समपदस्थ सुगिओनो हांणी हे बसकेचें फुडारपण केलें.

सोशल मिडियावेल्या एका पोस्टांत डॉ जयशंकर हांणी सांगलें, दोनूय राश्ट्रां मदल्या व्यापक रणनिती भागीदारींत फाटल्या वर्सांनी बरीच वाड जाल्या. राजकी, संरक्षण आनी सुरक्षा, दर्यावेळो आनी जहाज येरादारी, वेपार, फिनटॅक, भलायकी, वखदां, सारें, खनिज तशेंच पर्यटन, शिक्षण आनी संस्कृतीक सहकार्याचेर ह्या वेळार चर्चा जाली अशें तांणी सांगलें. तशेंच दोनूय फुडाऱ्यांनी प्रादेशिक घडामोडीं विशीं दिवप-घेवपाचेर आनी बहुपक्षीय समन्वय मुखार व्हरपाचेक तशेंच भारत-आसियायी संबंद घट करपाचेर भरप दिली.

डॉ जयशंकर हांणी सांगलें, फाटल्या चार वर्सांच्या काळांत दोनूय राश्ट्रांच्या द्विपक्षीय संबंदांत म्हत्वाची उदरगत जाल्या तशेंच भारत- इंडोनेशियेन फाटल्या वर्सा द्विपक्षीय संबंद स्थापन जाल्ल्याचीं पंच्यात्तर वर्सां मनयली.

पीएम बराक

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मेजर अभिलाशा बराक संयुक्त राष्ट्र संघटनेचो लश्करी लैंगिक समानताय अधिवक्ता पुरस्कार फावो जाल्ल्यान परबीं भेटयल्यां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या एका पोस्टांत प्रधानमंत्र्यानीं म्हणलां. हो भोवमान मेजर बराक हांच्या उत्कृश्ट सेवेक आनी संयुक्त राष्ट्र संघटनेच्या शांतताय राखपाच्या मोहिमेंत भारतान बऱ्याच काळासावन केल्ल्या योगदानाक मान्यताय दिता. हें काम देशांतल्या जायत्या तरणाट्या चलयां आनी तरणाट्यां खातीर प्रेरणा आसा अशेंय तांणी सांगलें.

मेजर अभिलाशा बराक सध्या लेबननांतल्या संयुक्त राष्ट्रांच्या शांतताय राखण मोहिमेंत एंगेजमेंट टीम कमांडर म्हणून काम करता. न्यूयॉर्कांत संयुक्त राश्ट्रांचे सरचिटणीस आंतोनियो गुटेरेसान तिका हो पुरस्कार भेटयलो.

तशेंच मेजर बराक ही भारतीय सैन्याची पयली बायल झुजारी हेलिकॉप्टर पायलट आनी हो प्रतिश्ठीत भोवमान मेळोवपी तिसरी भारतीय अधिकारी.

फुटबॉल

राश्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराश्ट्रपती सी पी राधाकृश्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारतीय फुटबॉल पंगडाक सैफ चँपियनशिप 2026त जैतिवंत जाल्ले खातीर परबीं भेटयल्यां.

काल गोंयांत मडगांव शारांत जाल्ल्या फायनलींत भारतान डिफेंडिंग चॅम्पियन बांगलादेशाक 3 बाद 1 अशी मात करून विक्रमी सव्या खेपे हें जैत मेळयलां.

खेळगड्यांनी पुराय सर्तींत उत्कृश्ट कुशळटाय, निर्धार आनी संघटनात्मक भावना दाखयली अशें राश्ट्रपती मुर्मु हांणी म्हणलां. पंगडाक मेळिल्ल्या येसाक लागून देशभरांतल्या तरणाट्या खेळगड्यांमदीं आत्मविस्वास आनी धैर्यान आपलीं सपनां साध्य करपाची प्रेरणा मेळटली असो विस्वास तांणी उक्तायलो.

उपराश्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन हांणी हें जैत भारतांतल्या बायलांच्या फुटबॉलाच्या वाडट्या बळग्याक प्रतिबिंबीत करता अशें म्हणलां. तशेंच देशा खातीर हो अभिमानाचो खीण आशिल्ल्याचें म्हळां.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी पंगडाच्या उत्कृश्ट कामगिरीची तोखणाय करून ह्या जैताक लागून फुडाराक आनीक तरणाट्यांक फुटबॉल खेळपाक प्रोत्साहन मेळटलें अशें म्हणलां. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी ह्या येसाक लागून देशभरांतल्या तरणाट्या खेळगड्यांक प्रेरणा मेळटली अशें म्हणलां.

पावस

मान्सून सक्रीय जाल्ल्यान फुडले दोन ते तीन दिसांनीं देशभर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय भारतीय हवामान खात्यान उक्तायल्या. सध्या उत्तर आनी मध्य भारतांतल्या कांय वाठारांनी उश्णतायेचें ल्हार सुरूच आसा

वेधशाळेच्या म्हणण्या प्रमाण मध्य अरबी दर्या, महाराष्ट्र, कर्नाटक, आंध्र प्रदेश, तेलंगणाचो कांय भाग, तमिळनाडूचे उरिल्ले भाग, नैऋत्य बंगालचो उपसागर, उत्तरेंतलो बंगालचो उपसार आनी ईशान्येच्या राज्यांनी फुडले दोन ते तीन दिसांत पावसाक पोशक वातावरणाची निर्मीती जातली.

दर्यादेगेवेलो कर्नाटक, केरळ, माहे, उपहिमालयन, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांगा फाल्यां व्हडा प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय आसा. फाल्यां अंडमान आनी निकोबार जुंवे, आंतरीक कर्नाटक, कोंकण, गोंय, लक्षद्वीप, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी ईशान्य राज्यांनीं व्हड प्रमाणांत पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

मजगतीं, हवामान खात्यान फुडले चार दीस दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, अस्तंत राजस्थान आनी दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेशांत उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला. वायव्य भारत आनी मध्य भारतांत फुडल्या तीन दिसांत चडांत चड तापमानांत दोन ते स अंश सेल्सियस वाड जावपाची शक्यताय आसा अशें विभागान म्हणलां.